**STORY**

आयज भाजपाचे वडील फुडारी नरेंद्र मोदी हांणी तिसरे खेपे प्रधानमंत्री पदाचो पदभार घेतल्या उपरांत किसान सम्मान निधीचो/17 वो हप्तो जारी केलो / ह्या निर्णयाचो णव कोटी 30 लाख शेतकारांक लावजातलो / सतराव्या हप्त्यांत सुमार २० हजार कोटी रुपयांची रक्कम शेतकारांच्या बँक खात्यांत जमा जातली /आपल्या

सरकाराचो पयलो निर्णय शेतकारांच्या कल्याणाखातीरची अफ्री बादल आसान हाजी गवाय दिना वचनबद्धताय सिद्ध करता तशेच फुडल्या दिसांनी आपलें सरकार शेती वाठार आनी शेतकारांच्या कल्याणाखातीर पुरायपणान कटिबद्ध आसा/अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें/ इतले मजगती नव्या केंद्रीय मंत्रीमंडळाची पयली बसका आयज सांजे जावपाची शक्यताय आसा.

**STORY**

बाणावली जिल्हो पंचायत पोटवेंचणुके खातीर आम आदमी पक्षान जोसेफ गॅब्रिएल पिमेंता हांका उमेदवारी जाहीर केल्या. आपाचे मुखेली अॅड. अमित पालेकार हांणी पत्रकार परिशदेत तांचे नावाची घोशणा केली. जोसेफ गॅब्रिएल पिमेंता हे इंडिया आघाडीचे उमेदवार आसतले, अशें तांणी जाहीर केले. मजगतीं, बाणावली जिल्हो पंचायत पोटवेंचणुके खातीर सोमारा सेगीत पाचव्या दिसा सुद्दा एकूय उमेदवारी अर्ज दाखल जावंक ना. 12 जून मेरेन उमेदवारी अर्ज सादर करपाची मुजत आसा. बाणावली जिल्हो पंचायती खातीर 23 जूनाक मतदान जातलें.

**STORY**

बाणावली पंचायत पोटर्वेचणुके सयत तरेकवार पंचायतींच्या 10 वॉर्डा खातीर 23 जुनाक मतदान जातलें. राज्य वैचणूक आयोगान पोंटवेंचणुकेची सविस्तर कार्यावळ जाहीर केल्या. पंचायतीच्या 10 प्रभागां खातीर सोमारा 7 उमेदवारी अर्ज दाखल जाले. आता मेरेन पंचायत पोटवेंचणुके खातीर वट्ट 14 अर्ज दाखल जाल्या. बाणावली मतदारसंघातले आपाचे उमेदवार हेंजल रॉड्रिग्ज हे अपात्र थारिल्ल्यान हे मतदारसंघा खातीर पोटवेंचणूक जाता. 12 जून मेरेन उमेदवारी अर्ज सादर करपाची मुजत आसा. 13 जूनाक अर्जाची छाननी जातली जाल्यार 14 जून ही अर्ज फांटी घेवपाची तारीख आसा. 24 जुनाक निकाल जाहीर जातलो.

**JAN 120**

कला आनी संस्कृती देवजण आनी पुरस्कार कला आनी संस्कृती संचालनालयान आपल्या वर्सुकी पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात. स्व-नामांकन आनी शिफारशी अश्या दोनूय पद्धतीन_हे_अर्ज_स्विकारतले अशें कला आनी संस्कृती खात्यान क ळीत केलां_दर वर्सा कला आनी संस्कृती खाते १५ वेगवेगळ्या सांस्कृतिक कार्यावळी खातीर अनुदान लेगीत दिता. ह्या येवजण्यांनी बदल सुचोवाविंशीलेगीत खात्यान कळीत केलां कला गौरव पुरस्कार, युवा सुजन पुरस्कार, गोमंत विभूषण पुरस्कार, उत्कृश्ट सांस्कृतीक संस्था पुरस्कार, गोंय राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार, अशे हे पुरस्कार आसात. कला आनी संस्कृतीच्या खंयच्याय मळार गोंया भायर शिक्षण घेवपी गायक कलाकाराक आर्थिक मजत, एखाद्या मंडळाक सांस्कृतीक गटाक वा संस्थेक संगीत वाद्य खरेदी करपा खातीर अर्थीक मजत करपी बाकीच्यो येवजण्यो आसात. २६ जुलय मेरेन अर्ज करूंक मेकळीक आसा अशें कला आनी संस्कृती खात्यान कळीत केला. सगळ्या येवजण्यांचो तपशील खात्याचे संकेतथळार उपलब्ध आसा.

**STORY**

फोडे आनी धारबांदोड्यां घोग्यांनी पडिल्ल्या पावसाक लागून लोकजीण विस्कळीत जाल्या. हरेम घोग्यांनी पडेपी पावसात होऊसिंगबोर्ड कुही होगा मोटार ड्रायव्हर आरिफ 'सस्यद (२० उसगांव) होणं लोखणीचे वेयेक धपको दिल्ल्यान तो जखमी जालो. जोल्यार "पुरेसे रोबेले ढवळे मुखेल रस्त्याचेर झाड पडिल्ल्यान बोरी फोर्डच्या मार्गा वयली येरादारी आडकून उरली, हलवृसिंग बोर्ड कुट्टे जीए ०८० एन् ८४९७ नंबराची गाडी फर्मागुडी 'वतोली पावसाक लागून नियंत्रण गेल्ल्याने मांड्येचो धपको लोखणाचे वयक बसली तोतूत आरिफ जख्मी जलो कोड ऊर्जा पालोवपी दळाच्या) जतानांनी ताको भायर काइले उपरांत उपजिल्को हॉस्पेिहलाले दोखले केली. उपरांत ताक्ने पुढल्या उपचारा-खातीर गोलकोत खांडेपारा रस्त्या कुशीक आशिल्लें झाड कोसळिल्ल्यान रस्तो नेमलो. फॉर्ड उजो पालोवपी दळाच्या नानांनी घडणुके सुवातेर वचून झाडा कुशीक काडलै, कवळ्यांय शेनवारा रातीं उसरां रस्त्याचेर झाड पडलें. ढवळे सकाळी रस्त्याचेर झाडे कोसेकिल्ल्यान रस्तो जुमलो ताका लागून हांगा येरसदारी रुप्प जाली घडणुके वेळार रस्त्यार वाहनां नाशिल्ल्यान अपघात जावपाचो वाल्वलो. बेतोड्यां जंक्शना लागसारा रस्त्याच्या कुशीक आशिल्ली माती पावसाच्या उदकान व्हांवून गेल्ल्यान जमनी पोंदच्यो लायटीच्यो सरयो दिसपाक लागल्यात. आयतारा दनपरां थळाव्या लोकांनी वीज खात्याच्या अभियंत्यांक म्हायती दिले उपरांत तांणी ह्या वाठारांत वचून पळोवणी केली.

**STORY 200**

२०२४ च्या अर्थीक वर्सा २४ परस चड उमेदवारांक पर्वरेची मिलेमार ज्ञान कंपनी आपले सयत काम करपाची संद दिता. गोंयच्या तरणाट्यांचेर लक्ष दिवन हे कंपनीन दुसरे फावट नोकर भरती मोहीम सुरु केल्या, अशी म्हायती कंपनीच्या अधिकाऱ्यान दिली. हे कंपनीचे नांव जावन आसा किलोवॉट'. ही गोंयची नामनेची तंत्रज्ञान कंपनी.

५०० परस चड कंपन्यांक सेवा दिवपी हे कंपनीन अर्थीक वर्साचे सुरवातेक सावन ३० नवे कर्मचारी नियुक्त केल्या. तशेंच वर्साचे निमाणे कडेन आनी ८० ते १०० कर्मचाऱ्यांक कामाक घेवपाचे तयारेंत ही कंपनी आसा. किलोवॉट खातीर कर्मचारी नियुक्त करपाची प्रक्रिया रिक्रूट ही एचआर कंपनी करता.

हालींची किलोवॉटची नियुक्ती विवीध विभागांनी व्यापल्या, जातूंत आशिया, उत्तर अमेरिका आनी युरोपांतल्या कंपन्यां वांगडा काम करप्यांचे कुशळटायेचो आसपाव आसा. नियुक्त केल्ल्या ह्या प्रतिभा मदीं तांत्रीक, गैर मांत्रीक, फ्रेशर्स आनी पीएचडी, वर्डप्रेस, नेट, रिऍक्ट आनी नोड सॉफ्टवेअर डेव्हेलोपर आसात. तशेच कंपनीत मॅन्युअल आनी ऑटोमेशन चाचर्णेत तज्ञ आशिल्लें सॉफ्टवेअर परीक्षक आनी सामग्री क्यूरेशन, एससीओ, सशुल्क जाहिराती, जायरात विश्लेशण आनी सोशल मीडिया वेवस्थापनांत कुशल डिजिटल मार्केटिंग विशेशन ला आसात.

किलोवॉट हातूंत एचआर, फायनान्स आनी सेल्सांत वेवसायिकांची तशेंच प्रोजेक्ट मॅनेजर, डिलिव्हरी मॅनेजर आनी ऑपरेशन्स मॅनेजर अश्या वेवस्थापकीय भुमिकांची नियुक्ती केली.

आमी नवे करार केल्यात आनी आमचे वाडीचे संदी विशीं उमेदी आसा. गोंयांत आमचो कर्मचारी आंकडो वाडपा खातीर आनी थळाव्या आयटी क्षेत्राचे उदरगतींत योगदान दिवपाक थळाव्या पांवड्यार काम करपाक आमी वचनबद्ध आसात, अशें किलोवॉटचे सह-संस्थापक एरन फर्नांडीस हांणी म्हणलें. नियुक्तीच्या फुडल्या टप्प्यांत कंपनीचे गरजे प्रमाण विवीध विभागांनी आनीक कर्मचारी घेतले.